**ज्येश्ठ नागरिकांच्या मदतीखातीर खास विभागाची स्थापणूक**

ता. 9 डिसेंबर 2022

गोंय राज्य कायदो सेवा प्राधिकरणान ज्येश्ठ नागरिकांच्या मदतीखातीर खास विभागाची स्थापणूक केल्या. न्यायमूर्ती श्री महेश सोनक हांच्या मार्गदर्शनाखाला विभागाचे काम चलतले.

ज्येश्ठ नागरिकांक न्याय मेळोवन दिवप हे ह्या विभागाचे मुखेल काम आसतले. गरजू ज्येश्ठ नागरिकांक फुकट कायदेशीर मदत दिवप, नोकरीतल्यान निवृत्त जावप, भुरग्यांपासून पयस जावप, मित्र आनी आपली मनशां पयस जावप अशा वेळार ज्येश्ठ नागरिकांक सामाजिक सहभागाखातीर मदत करप, दुयेंत ज्येश्ठ नागरिकांक गाडी चलोवपाक वा हेर मदत करपाचो वावर विभागावतीन करतले.

तशेंच ज्येश्ठ नागरिकांच्या कल्याणाखातीर राज्य कृती आराखडो तयार करप, येवजणो आखप, ज्येश्ठ नागरिकांच्यो गरजो जाणून घेवप, अटल वयो अभ्युदय येवजणेचो लाव मेळोवन दिवपाक मदत करप, ज्येश्ठ नागरिकांखातीर आशिल्ल्या राज्य सरकारच्या विविद येवजणो आनी कार्यक्रमांविशीं जागृताय करप आनी ज्येश्ठ नागरिकांच्या मदती खातीर हेर वावर करपात येतलो.

ज्येश्ठ वकील श्री सुदिन उसगावकर, सरकारी वकील शैलेंद्र भोबे, नेत्रतज्ज्ञ-जीएमसी बांबोलीम जीएमसीच्यो दोळयांच्यो दोतोर डॉ. दिप्ती श्रीवास्तव, क्लिनिकल सायकोलॉजिस्ट अमिता केणी, निवृत्त सिव्हिल रजिस्ट्रार रामदास पेडणेकर, वकील श्री प्रभु वेर्लेकर, श्री जतिन रामैया, श्री शरण डावरे (माहिती तंत्रज्ञान प्रमुख) हे विभागाचे हेर वांगडी आसात

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/771

0

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji